**गोंय विद्यापीठान प्रकल्प सहाय्यक पदाखातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 10 जुलय 2024

गोंय विद्यापीठान ICSSR-पुरस्कृत " धर्म, जीवनमान आनी भौशीक धोरण: लडाख संघप्रदेशात टिबेटन शरणार्थी आनी लडाखातल्या बुध्दधर्मियांमदीं परस्पर संबंदांचेर युक्तिवाद" ह्या विशया वयल्या मुखेल संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक आठ म्हयन्यांच्या काळाखातीर (आनीक 10 म्हयने वाडोव येता) एका प्रकल्प सहाय्यक पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

उमेदवारा कडेन खंयच्याय समाजशास्त्रातली Ph. D./ M. Phil./MA पात्रताय आसपाक जाय. उमेदवाराक लडाखी आनी/वा टिबेटन भाशा उलोवपाचे आनी QGIS चे मुळावे ज्ञान आवश्यक आसा. म्हयन्याक 37,000/- रूपया पगार आसतलो.

मुलाखत 15 जुलय 2024 दिसा सांजेच्या 3.30 वरांचेर रूम नं. BG 03, डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी आचरणात्मक अभ्यास स्कुल हांगा आयोजीत करतले. ऑनलायन मुलाखतीचो पर्याय निवडपी उमेदवारांनी 12 जुलय 2024 मेरेन joannacoelho@unigoa.ac.in ह्या ई-मेलाचेर कळोवचे. मुलाखाती वेळार मुळ गुणपत्रीका, प्रमाणपत्रे आनी हेर दाखल्यांची तपासणी करतले. चड म्हायती खातीर joannacoelho@unigoa.ac.in ह्या ई-मेलाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/250

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.